# खेळां शिक्षकांक राज्य पुरस्कार भेटयले

ता. 23 फेब्रूवारी 2018
4 फाल्गून 1939

खेळां आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आयज पर्वरी सचिवालयात आयोजित कार्यक्रमात दोगा खेळां शिक्षण शिक्षकांक 2016-17 चे राज्य पुरस्कार भेटयले.

हया वेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी पुरस्कार जैतवंत शिक्षकांचे अभिनदंन करून भुरग्यांचे व्यक्तीमत्व घडोवपाक शिक्षकाची भूमिका म्हत्वाची आसता, अशे सांगले. आजय आमचे खेळगडे साबार खेळांनी पदकां मेळयता आनी हांचे श्रेय पीई शिक्षकांक वता. पीई शिक्षकांच्या प्रशिक्षणाखाला हे खेळाडू तयार जातात. खेळा शिक्षकांनी खेळगडयाक योग्य मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षण दिवन खेळां मळार गोंयचे नाव वयर काडपाक हातभार लावचो अशेंय खेळांमंत्र्यान सांगले.

माध्यमिक शिक्षण विभागात प्रियोळ-फोंडेच्या शिक्षा सदन माध्यमिक शाळेचे शारीरिक शिक्षण शिक्षक श्री. हनुमंत तुळशीदास नाईक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण विभागात म्हापशेंच्या सेंट झेवियर उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे शारीरिक शिक्षण शिक्षक श्री. न्युटन आर्थूर आझावेदो हांका पुरस्कार भेटयले.

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालक श्री. व्ही.एम.प्रभूदेसाय हांणी शाळांच्या वेवस्थापनांनी विद्यार्थी आनी खेळा शिक्षकांक खेळां सर्तींनी सहभागी जावपाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

राज्य पुरस्कार जैतवंत शिक्षकांनीय हयावेळार आपले मनोगत व्यक्त केले.

श्री. दत्तात्रय प्रभूदेसाय हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. पालवी संचालक श्रीमती जेनिफर फेरांव गोन्साल्विस हांणी निमणे उपकार मानले.